गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 10 वर्स 2021**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22-10- 2021 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर , कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांत" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**II भौशीक भलायकी खातें**

**अ. भलायकी सेवा संचालनालय**

1. **आहारतज्ञ** (Dietician) **...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** **रू.** 9,300 – 34800 **+** 4,200/ (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान गृह विज्ञान पदवी वा तत्सम (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :(i) आहारतज्ञाची पदविका .(ii) पदव्युत्तर पदविका वा पोशण पदवी ( iii) हॉस्पिटलांत आहारतज्ञ म्हूण अणभव (iv) मराठीचें गिन्यान.

2. **कनिश्ठ नेत्र शल्यचिकित्सक (Junior Ophthalmic Surgeon) ...... 1 पद**

3. **कनिश्ठ अस्तिरोग तज्ञ (Junior Orthopaedic Surgeon ) ...... 1 पद**

4. **कनिश्ठ विकिरणशास्त्री (Junior Radiologist) ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 **+5,400 (** पूर्व – सुदारीत ) ( सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) ) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 19 56 (1956 चो केंद्रीय कायदो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) (1956 चो केंद्रीय कायदो 102) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका . (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान

**बी. <u>गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>**

1. **व्याख्याते :**

**(i) शस्त्रक्रिया (Surgery) ...... 6 पदां [ 2 पदां अनुसुचीत जमाती, 1 पद हेर मागास वर्गियांक आरक्षीत ]**

**(ii) मॅडिसीन ( Medicine) ....... 1पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (4 ते फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 **+6,600 (** पूर्व – सुदारीत ) ( सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) ) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 19 56 (1956 चो केंद्रीय कायदो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) (1956 चो केंद्रीय कायदो 102) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका . (iii) वैजकी महाविद्यालयांत/शिक्षणीक संस्थेंत निबंधक / अनुशिक्षक ( Tutor)/ वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत 3 वर्सां शिकोवपाचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान

2. **संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षणक्रमांत सहायक प्राध्यापक**

**(i) वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञान ( Medical Imaging Technology) ...... 2 पदां (2रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 +6,600 ( पूर्व – सुदारीत ) ( सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) ) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञानां त विज्ञान पदव्युत्तर पदवी (मास्टर्स पदवी). ( ii) संबंदीत विशेशतायेंत कमीत कमी तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान

**(ii) ऑप्टोमॅट्री (Optometry) …… 2 पदां (2रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 +6,600 ( पूर्व – सुदारीत ) ( सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) ) **पिराय** - 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्री विशयांत मास्टर्स पदवी. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत कमीत कमी तीन वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव . (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## <u>II. उच्च शिक्षण संचालनालय</u>

**<u>गोंय गृह विज्ञान महाविद्यालयांत ग्रंथपाल</u> (Librarian in Goa College of Home Science) ...... 1 पद (2रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** **रू.**15,600-39,100+**6,000**/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) उण्यांत उणे 55% गुणा सयत वा ताचे तत्सम यूजीसीचे 7 पॉयण्ट स्केल प्लस ग्रेड ‘बी’ सयत ग्रंथालय विज्ञानांत/माहिती विज्ञानांत/दस्तावेजीकरण वा वेवसायांत तत्सम पदवी सयत बऱ्या शिक्षणीक वावराचें ज्ञान , ग्रंथालयाचें संगणकीकरण. (ii) विद्यापीठ अनुदान आयोगान प्रयोजना खातीर आयोजीत केल्ले राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (ऍनईटी) वा विद्यापीठ अनुदान आयोगान अधिमान्य केल्ले राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षेंत (ऍसईटी) निव्वळ पात्रताय. पीएच.डी. पदवी आशिल्ल्या उमेदवारांक ऍनईटीचे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली. उमेदवार जे पीएच.डी पदवी धारक आसून विद्यापीठ प्रणालींत भरती आसात आनी 1991 वर्सा पयली मास्टर्स पदवी घेतिल्ले आसात तांकां महाविद्यालयीन ग्रंथपाल नियुक्ती खातीर 55 % तल्यान 50 % अशी 5 %ची सूट दितले. **(v)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. ग्रंथालय विज्ञानांत/माहिती विज्ञानांत/दस्तावेजीकरण/पुराभिलेखसंग्रह आनी हातबरप सांबाळणी विशयांत पदवी (ii) मराठीचें गिन्यान.

## III.उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय

**नियोजन अधिकारी (Planning Officer)** ….2 **पदां [1 पद हेर मागास वर्गा खातीर आरक्षीत ) (5वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 9,300-34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अर्थशास्त्र विशयांत मास्टर्स पदवी

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** – (i) वेवसाय वेवस्थापन विशयांत पदव्युत्तर पदवी (ii) मराठीचें गिन्यान.

## IV. नगर आनी ग्राम नियोजन खातें

**उप नगर नियोजक (Dy. Town Planner)** …… **1** पद

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :- (i)** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/संस्थेंतल्यान प्रांतीय/नगर नियोजन पदवी वा तत्सम. (ii) नियोजन वा वास्तुशिल्पशास्त्र कार्यालयांत काम केल्ल्याचो 2 वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीप 1**: उमेदवार उच्च गुणवत्ता प्राप्त आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करूंक शकता.

**टीप 2**: अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातीच्या उमेदवारांचे बाबतींत जरी नेमणुकेच्या खंयच्याय स्तराचेर आरक्षीत आशिल्लीं पदां भरूंक जाय आशिल्लो अणभव आशिल्ले उमेदवार आरक्षीत समाजांतल्यान मेळचे नात अशें मत गोंय लोक सेवा आयोगाचें आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान अणभवा संदर्भांतली पात्रताय सदळ करूं शकता.

**ऐच्छिक** – (i) नगर नियोजकांच्या (भारत) संस्थेचे सहकारीपद वा वेवसायीक संस्थेचें तत्सम वांगडीपद. (ii) विकास आराखडो तयार करपाचो अणभव. **(iii)** मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.